# शाळांतल्या प्रवेशाबाबतीत कळोवणी

ता.25 एप्रिल 2018
05 वैशाख 1940

ज्या विद्यार्थ्यांक खंयच्याच मुळाव्या, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी प्रवेश मेळूक नां अशा विद्यार्थ्यांनी आपली नावां, पत्तो आनी पालकांच्या फोन नंबरासयत संबंदीत विभागीय शिक्षण अधिका-याच्या कार्यालयाकडेन नोंद करची, अशें शिक्षण खात्यान कळीत केला.

केंद्रीय शिक्षण विभाग, पणजी, उत्तर शिक्षण विभाग, म्हापशे आनी दक्षिण शिक्षण विभाग, मडगांव हांगा नाव नोंदणी करची.

शिक्षण खाते संबंदीत विभागातल्या खंयच्याय एका शाळेत रिकामे आशिल्ल्या जाग्यांचेर विद्यार्थ्यांची वेवस्था करतले.